# Akashvani Panaji Goa National Bulletin 8.40am 19.04.24

मुखेल खबरो सूरज ता. १९ पप्रिल.... वेळ सकाळी ८.१

१. लोकसभेच्या पयल्या पांवड्याखातीर आज मतदान, २१ राज्यां आनी केंद्रशासीत प्रदेशांनी मेळून १०२ लोकसभा सुवातांखातीर सकाळसावन मतदान, १६२५ उमेदवार वैचणूक रिंगणांत

२. मतदारांनी, आनी खासाकरून नवमतदारांनी आपली मतदानाचो हक्क सोडचो न्ही, देशाच्या फुडाराक दिशा दिवंक मोठ्या प्रमाणांत मतदान करचें, राष्ट्रपतींचो उलो

३. लोकसभेच्या दुसऱ्या पांवड्याच्या प्रचाराक नेट, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांची आज महाराष्ट्राच्या वरधांत प्रचार सभा

४. पॅलेस्टायनाक एकवटीत राष्ट्रसंघाचें पुराय वांगडीपद दिवपाचो सुरक्षा मंडळाचो थाराव अमेरिकेन नकारानधिकारान आडायलो

५. इराणान ताब्यांत घेतिल्ले एमएससी एरीज बोटीवेल्या भारतीय तारवटींक मुक्त करून भारतांत हाडपाच्या यत्नांक नेट, विदेश वेव्हार मंत्रालयाची म्हायती

६. उदेंतो भारत, मध्य भारत, उत्तरी कोंकण, दक्षिणचे दर्यादेग वांठारांनी हे दोन दीस कालोराच्या ल्हाराचो अदमास, गोंयांतूय गडगड, जगलां, नेटान वारें मारून पावसचो अदमास

७. आयपीएल क्रिकेट सतींत रातीं जाल्ल्या खेळांत मुंबय इन्डियन्सान पंजाब किंग्साक हारयले 9 धांवड्यांनी, आज लखनऊ सूपर जायंट्स आड चेन्नय सूपर किंग्स

**लोकसभा टप्पो-1 मतदान**

लोकसभेच्या पयल्या पांवड्याखातीर वैचणूकेचें आज मतदान जाता. पयल्या पांवड्याखातीर आज 17 राज्यां आनी 4 केंद्रशासीत प्रदेशांनी मेळून १०२ लोकसभा सुवातांखातीर मतदान जाता.१ हजार ६२५ उमेदवार वैंचणूकेचे रिंगणांत आसात. अरुणाचल प्रदेश, मेघालय, मिझोराम, नागालॅन्ड, सिक्किम, अंदमान-निकोबार, लक्षद्वीप, पुड्डुचेरी, उत्तराखंड आनी तामिळनाडूंत पयल्या पांवड्यार मतदान जातलें. खेरीज राजस्थानांत १२, उत्तर प्रदेशांत ८. मध्यप्रदेशांत ६. आसाम आनी महाराष्ट्रांत ५ सुवातो, बिहारांत ४, अस्तंत बंगालांत ३. मणिपूरांत दोन, छत्तीसगढ, त्रिपूरा आनी जम्मू आनी काश्मिरांत दरेकी एके लोकसभा सुवातैखातीर मतदान जातलें. वैचणूक आयोगान ह्या पांवड्यावेले वैचणूकेखातीर देशभरांत साडेतिनशै वैचणूक निरीक्षकांची नेमणूक केल्या. मतदान मुक्त आनी निश्पक्ष जावचे म्हूण वेवस्थेचेर देखरेख दवरूंक वैचणूक आयोगान १२७ जनरल, ६७ पोलीस आनी १६७ खर्चाविशीं

निरीक्षकांची नेमणूक केल्या. एकूण सात पांवड्यांनी लोकसभेची वैचणूक जातली. ४ जूनाक सातूय पांवड्यांची मेळून एकठांय मतमेजणी जातली. पयल्या पांवड्यार अरुणाचल प्रदेश आनी सिक्किम विधानसभांच्यो, वैचणूकोय जावपाच्यो आसात. सकाबी सातवांचे मवमतदार आसान

**चवथो पांवडो अधिसुचोवणी**

इतले मजगतीं, लोकसभा वैचणुकेच्या चवथ्या पांवड्याखातीर अधिसुचोवणी वैचणूक आयोगान बाल ज्यारी केली. ह्या पांवड्यार ९ राज्यां आनी केंद्रशासीत प्रदेशांनी मेळून ९६ लोकसभा सुवातांखातीर १३ मेक मतदान जातलें. उमेदवारी दाखल करपाक २५ एप्रिलमेरेन मुजत आसतली. इतले मजगतीं, तिसऱ्या पांवड्यावेले वैचणूकेखातीर उमेदवारी अर्ज घालपाची मुजत आज सोपता. ह्या पांवड्यार १० राज्यां आनी २ केंद्रशासीत प्रदेशांनी ९४ लोकसभा सुवातांखातीर ७ मेक मतदान जातलें. तातूंत गोंयच्या दोन सुवातांचोय आसपाव आसा.

**प्रधानमंत्री वरधा ५५**

भाजपाचे ज्येश्ट फुडारी, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांची आज महाराष्ट्राच्या वरधांत प्रचार सभा जातली. भाजपाचे महाराष्ट्रांतले फुडारी हे बसकेक आसतले. वरधा मतदारसंघाच्या तळेगावांत प्रधानमंत्र्यांची आज सांजे सभा जातली. महायुतीचे वतीन भाजपाचे सध्याचे खासदार रामदास तडस ह्या मतदारसंघांतल्यान तिसरे खेप वेंचणूक लढटात. महाविकास आघाडीचे वतीन राष्ट्रवादी काँग्रेस शरदचंद्र पवार गटाचे अमर काळे वरधांत उमेदवार म्हण उभे रावल्यात.

**राष्ट्रपती मतदान उलो २१५**

आज लोकसभेचे वेंचणूकेत पयल्या पांवड्यावेले मतदान जाता आसतना राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणीं नागरिकांनी मोठ्या प्रमाणांत भायर सरून मतदान करचें, असो उलो मारला. देशाच्या फुडाराक दिशा दिवपाखातीर मतदानांत वांटेकार जावप म्हत्वाचे. खासाकरून नवमतदारांनी ही संद सोडची न्ही. आपलो संविधानीक हक्क आनी कर्तव्य पुराय करचें, अशें राष्ट्रपतींनी मागलां. भारत हो फक्त सगल्यांत मोठी लोकशाय न्ही, तर भारत ही लोकशायेची जननी, अशें रा ष्ट्रपतींनी मतदारांक दिल्ल्या संदेशांत म्हणलां.

इतले मजगतीं, एका मताचें मोल उणें लेखचें न्ही, अशें मुखेल वेचणूक आयुक्त राजीव कुमार (हाणीं म्हणलां. कितलेशाच वेंचणूकांनी एका मताचेर निकाल वयर-सकयल जाल्यात, हाची जाणीव मतदारांनी दवरून आपलें मत आयच्यान सुरु जावपी लोकसभेखातीरच्या मतदानांत नोंद करचें, अशें वेंचणूक आयुक्तांनी म्हणलां. ते आकाशवाणीकडेन उलयताले. वेंचणूक ही लोकांखातीर आसता आनी वेंचणूकेत लोकांमुखार पर्याय आसतात, अशें राजीव कुमार हाणीं म्हणलां. तेचबरोबर, मतदानाक वतना कालोराच्या ल्हारेविशींय जतनाय घेवपाचो उलो मुखेल वेंचणूक आयुक्तांनी मारला. कालोराच्या ल्हारापरस मतदारांचो नेट चड आसतलो, अशी आस्त ताणीं उक्तायल्या.

**STORY**

देशी तंत्रज्ञानाचेर विकसीत क्रूज क्षेपणास्त्राचे रक्षा संशोधन आनी उदरगत संस्था, डीआरडीओन काल येसस्वी परीक्षण केलें. भारतीय वायू दळाच्या सूखोय-३० मार्क-वन झुंजारी विमानावरवीं है परीक्षण जालें. गॅस टर्वायन तंत्रज्ञानाचेर आदारीत देशी तंत्रज्ञानाची सिद्धता हे परीक्षणांवरवीं सिद्ध जाल्या. लक्ष्याचो निश्चित आनी अचूक वेध घेवपाची तांक ह्या नव्या तंत्रज्ञानाचेर आदारीत क्रूज क्षेपणास्त्रांत आसा. डीआरडीओचे अध्यक्ष डॉक्टर समीर व्ही कामत हाणीं हो प्रकल्प येसस्वी करपी डीआरडीओच्या पंगडाक परबीं भेटयलीं. रक्षा मंत्री राजनाथ सिंग हाणींय क्षेपणास्त्राचे येसस्वी परीक्षणाखातीर डीआरडीओची तोखणाय केल्या.

**नस्ले फूड सेफ्टी १६५**

ल्हान भुरग्यांखातीर आशिल्ल्या दूदाच्या उत्पादनांत नॅस्ले साखरेचो वापर करता म्हण आयिल्ल्या दाव्याचें भारतीय खाद्यान्न सुरक्षा आनी प्रमाणीकरण अधिकारीणी परीक्षण करता. शास्त्रीय गटामुखार एफएसएआय आपलो अहवाल दवरतली. स्विसाचे एके संघटनेन नॅस्लेच्या दूदाच्या उत्पादनाविशीं हो दावो केल्लो. दोन वर्सांमेरेनच्या भुरग्यांखातीर आशिल्ल्या दूदाच्या उत्पादनांत नॅस्ले साखरेचो वापर करता म्हण हो दावो केला. कमी आनी मध्य येणावळ आशिल्ल्या देशांनी नॅस्ले असलीं उत्पादनां विकता, मात हींच उत्पादनां गिरेस्त देशांनी विकता तातूंत साखेरोच वापर केल्लो आसना, असो हो दावो आसा.

**राण-भारतीय तारवटी**

इराणान ताब्यांत घेतिल्ले एमएससी एरीज हे बोटीचेर आशिल्ली भारतीय कॅडेट ॲन तेसा सुरक्षीत भारतांत पावली. कोचीन आंतरराष्ट्रीय विमानतळाचेर ती काल सुरक्षीत पाविल्ल्याची म्हायती विदेश वेव्हार मंत्रालयान दिल्या. तेहरानांतलो भारतीय दूतावास आनी इराण सरकाराच्या समन्वयान ही गजाल साध्या जाल्या, अशें मंत्रालयान म्हणलां. भारतीय दूतावास बोटिवेल्या उरिल्ल्या १६ तारवटींच्या सातत्यान संपर्कात आसा. तांची भलायकी ठीकठाक आसा. तारवटी तांच्या घरच्यांकडेनूय संपर्क दवरून आसात, अशें विदेश वेव्हार मंत्रालयान कळीत केलां. हे तारवटी सुरक्षीत उरचे म्हण भारतीय दूतावास इराण सरकाराच्या अधिकारीणींबरोबर संपर्क दवरून आसा. विदेश वेव्हार मंत्री एस जयशंकर हाणीं हेविशीं तांचे इराणी समपदस्त आमीर अब्दोलाहियां हांचेबरोबर चर्चा केल्ली.

**आयएमडी हीट व्हेव १२५**

भारतीय हवामान खात्यान ओडिशा आनी अस्तंत बंगालाच्या कांय वांठारांनी हे दोन-तीन दीस कालोराचे खर ल्हाराचो अदमास उक्तायला. तेचबरोबर झारखंड, उत्तरी कॉकण, सौराष्ट्र, मध्य महाराष्ट्र, आंध्र प्रदेशाची दर्यादेग, तेलंगण, तामिळनाडू आनी पुड्डुचेरींतूय कालोराचे ल्हाराची परिस्थिती आसूं येता, असो हवामानाचो अदमास आसा. भारताचे उदैते आनी दक्षिणी वाठारांनी हे दोन तापमान सरासरीपरस २ ते ३ अंश सेल्सियस वाडूं येता, असो हवामान खात्याचो अदमास आसा. उत्तरी अस्तंत भारताच्या जम्मू काश्मीर, लदाख, गिल्गिट, बाल्तिस्तान, मुझफ्फराबाद, हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंडाच्या कांय वांठारांनी गडगड, जगलां आनी नेटान वारें मारून पावस पडपाचो

अदमास आसा. पंजाब, हरयाणा, चंदिगढ आनी दिल्लीत हे दोन दीस शिंपडून पावस पडपाचो अदमास आसा. गोंयच्या कांय वांठारांनी गडगड, जगलां आनी नेटान वारें मारून पावस पडपाचो अदमास पणजे वेधशाळेन काल सांजे उक्तायला. गाँयांत काल तापमान सरासरीचे वयर वचून ३४ अंश सेल्सियस नोंद जालां.

**यूएन पेलेस्टायन ८५**

पेलेस्टायनाक एकवटीत राष्ट्रसंघाचें पुराय वांगडीपद दिवंक सगलेवटेच्यान मोठो तेंको आसतना अमेरिकेन हो प्रस्ताव आडायला. पॅलेस्टायनाक एकवटीत संघाचें पुराय बांगडीपद दिवचें म्हूण १९३ वांगड्यांच्या एकवटीत राष्ट्रसंघाचे सुरक्षा मंडळामुखार हो प्रस्ताव आयिल्लो. अमेरिकेन तो नकाराधिकार वापरून आडायलो. ब्रिटन आनी स्विझलँन्डान मतदानांत वांटो घेतलो ना. जाल्यार पंदरांतल्या हेर १२ वांगड्यांनी थारावाचेर हयकाराचें मतदान केलें. पॅलेस्टायनाक स्वतंत्र राष्ट्राची मान्यताय दिवपाविशींची प्रक्रिया ही इस्रायल आनी पॅलेस्टायन हांचेमजगतीं चर्चेवरवीं जावंक जाय, एकवटीत राष्ट्रसंघावरवीं न्ही, अशें मत अमेरिकेचे पालवी राजदूत रॉबर्ट वूड हाणीं सुरक्षा मंडळाचे बसकेंत उलयतना सांगलें. राष्ट्रपती मतदान उलो २१५

**आयपीएल ८५**

आयपीएल क्रिकेट सतींत रातीं जाल्ल्या खेळांत मुंबय इन्डियन्सान पंजाब किंग्साक 9 धांवड्यांनी हारयले. चंदिगढांत रातीं खेळ जालो. 193 धांवड्यांची पाठलाग करतना पंजाब किंग्साचो डाव 19 पूज्य 1 शटकांत 183 धांवड्यांचेर सोपलो. पंजाबाच्या आशूतोश शर्मान सगल्यांत चड 28 बॉलांत 61 धांवड्यो काडल्यो. मुंबयखातीर जसप्रित बूमरा आनी गेराल्ड कोझीन दरेकी तीन गडे बाद केले. आदीं फलंदाजी करतना मुंबयन सात गडे वगडावन 20 शटकांनी 192 धांवड्यांचें आव्हान दिलें. सूर्यकूमार यादवान 53 वॉलांनी 78 धांवड्यो काडल्यो. आज सांजे लखनऊ सूपर जायंट्स आड चेन्नय सूपर किंग्स खेळ लखनऊंत एकना क्रिकेट मैदानाचेर जातलो.